- कार्यशाळेच्या समारोप कार्यक्रमात  प्रधानमंत्री मोदी समारोपाचे उलोवप करतले
- हुंवाराचे परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां पंजाबाक भेट दितले
- चीनातल्या जिनिंग हांगा जाल्या १८ व्या आंतरराष्ट्रीय पृथ्वी विज्ञान ऑलिंपियाडातलया  विजेत्या विद्‌यार्थ्यांचो केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी भौमान केलो
- ८२ व्या व्हेनिस चित्रपट महोत्सवात भारतीय चित्रपट निर्माती अनुपर्ण रॉय हांका ओरिझोन्टी विभागात सर्वोत्कृष्ट दिग्दर्शकाचो पुरस्कार मेळला

BJP

केंद्रीय संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हांणी म्हणले की, नवी दिल्लीत भाजप खासदाराची प्रशिक्षण कार्यवळ बरी सुरू आसा. कार्यशाळेच्या पयल्या दिसाच्या समारोपा उपरांत माध्यमांकडे उलयताना  रिजिजू हांणी म्हणले की, ही कार्यशाळा अतिशय व्यवस्थित आणि अत्यंत व्यावसायिक आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सगळ्या प्रशिक्षण सत्रांक उपस्थित आशिल्ले रिजिजू हाणी म्हणाले की, एनडीए पक्षांचे खासदार लेगीत आज कार्यशाळेत वाटेकार जातले.  प्रधानमंत्री मोदी कार्यशाळेच्या समारोप कार्यक्रमात समारोपाचे उलोवप करतले अशे ताणी सांगले.

फाल्यां जावपी उपराष्ट्रपती वेंचणुके खातीर मतदान प्रक्रिये विशीं खासदारांक मुळावें प्रशिक्षण दिवपा खातीर संसद संकुलांतल्या बालोगी हॉलांत काल दोन दिसांच्या कार्यशाळेक सुरवात जाली. कालचे कार्यशाळेंत मोदी हांणी निमाणे रांगेत बसून एका सामान्य भाजप खासदाराप्रमाण नम्रताय दाखयली. भाजपा संसदीय पक्षान काल कार्यशाळेंत फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणां विशीं एक थाराव संमत केलो. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी मांडल्ल्या थारावांत प्रधानमंत्र्याक ह्या धाडसी आनी नागरिकांक अनुकूल निर्णया खातीर परबीं दिवन लोकांचे उपकार मानले. सुदारणेच्या फुडल्या टप्प्यांत ही वेवस्था सोपी जाल्या आनी नागरीकाक ताच्या काळजांत सुवात मेळ्ळया अशें थारावांत म्हणलां. अन्न आनी वखदां, तशेंच इलॅक्ट्रॉनीक वस्तूंचे दर खूब उणे केल्यात, रिव्हर्स चार्ज सारकिले विकृती दुरुस्त करतात, ल्हान वेवसाय, निर्यातदार आनी स्टार्टअप हांचे खातीर प्रक्रिया सोंपी करतात अशें तातूंत म्हणलां.

पंजाब

हुंवाराचे परिस्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां पंजाबाक भेट दितले. थळाव्या परिस्थितीचें वैयक्तिकरित्या मुल्यांकन करून वास्तवताय समजून घेवन बाधित लोकांक चडांत चड मजत मेळतली अशी अपेक्षा आसा. पंजाब भाजपाचे अध्यक्ष सुनील जाखड हानी सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून हे भेटीची पुष्टी केल्या. प्रधानमंत्र्यांक ह्या संकश्टाचो खर हुस्को असा  आनी ते घडणुकांचेर बारीकसाणेन नदर

दवरता अशें तांणी सांगलें. भारत सरकार पंजाबांतल्या लोकां वांगडा ठामपणन उबें आसा अशें जाखड हानी सांगलें. हाचे आदीं केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हानी राज्यांत भेट दिवन परिस्थितीचें मुल्यांकन केलें. तशेंच हुंवाराक लागून जाल्ल्या लुकसाणाचें मुल्यांकन करपा खातीर दोन केंद्रीय आंतर मंत्रालयीन पंगड नेमल्यात.

बिहार

बायलांक रोजगाराची संद मेळची हे खातीर बिहाराचे मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांणी मुखामंत्री महिला रोजगर येवजण सुरू केल्या. ही येवजण लोकप्रिय करपा खातीर मुख्यमंत्र्यान जायत्या प्रचार व्हॅनांक पाचवो बावटो दाखोवन येवजणे खातीर पोर्टल सुरू केलें. हे येवजणे खाला राज्यांतल्या दरेका कुटुंबांतल्या एका बायलेक तिच्या आवडीचो वेवसाय सुरू करपा खातीर अर्थीक मजत दितले. अर्थीक मजतीचो पयलो हप्तो म्हूण दरेकल्या वेंचून काडिल्ल्या बायलेक डीबीटी वरवीं 10 हजार रुपया मेळटले. ग्रामीण उदरगत खातें ही येवजणेची नोडल एजन्सी आसतली आनी बिहार ग्रामीण उदरनिर्वाह प्रवर्धन एजन्सी जीविका ही येवजण चालीक लायतली.

SC

वेचणूक आयोगान २४ जूनाक बिहारात वेचणूक वळेरीचे विशेष सघन पुनरीक्षण (SIR) करपाच्या निर्णयाक आव्हान दिवपी याचिकांचेर सर्वोच्च न्यायालयात आज सुनावणी जातली. न्या. सूर्यकांत आणि जयमाल्या बागची यांचे खंडपीठ राष्ट्रीय जनता दल (RJD), अखिल भारतीय मजलिस-ए-इत्तेहादुल मुस्लिमीन (AIMIM) आणि हेर याचिका कर्त्यांकडच्यान आयिल्या जापाचेर विचार करतले. वेचणूक आयोगान अशे सादर केला की मसुदो मतदार वळेरीतल्या ७२.४ दशलक्ष मतदारांपैकी ९९.५ टक्के मतदारांनी SIR प्रक्रिये वेळार तांचे पात्रता दस्तऐवज सादर केल्ले. न्यायालय या प्रकरणाचेर परत सुनावणी सुरू करतले, जातून  स्वयंसेवी संस्था, कार्यकर्ते आणि राजकीय पक्षांच्यो याचिका आसपावतात. न्यायालयान हे आदी आयोगाक SIR प्रक्रियेचो भाग म्हणून भौतिक स्वरूपात सादरीकरण करपा व्यतिरिक्त, वगळलेल्या मतदारांक ऑनलाइन दावे सादर करपाची परवानगी दिवपाचे निर्देश दिल्ले.

VIDEO

सोशल मीडियाचेर चलतल्या एका बनावट व्हिडिओक सरकारान भायरायला,जातुन भारतीय लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदीचे  फटीचे विधानांक दाखयला. या व्हिडिओतल्यान अशी दिशाभूल जाता की जनरल द्विवेदी यांनी ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतान लढाऊ विमाना आणि सैनिक वगडायल्याचो दावो केल्लो . प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या फॅक्ट चेक युनिटान एका सोशल मीडिया पोस्टत स्पष्ट केले की ही सामग्री बनावट एआय-निर्मित आसा आणि लोकांनी अशा चुकीच्या माहितीक बळी पडचे न्हय अशे आवाहन केला

जितेंद्र

केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हाणी नवी दिल्लीत विजेत्या विद्यार्थ्यांचो भौमान केलो. फाटल्या महिन्यात चीनातल्या जिनिंग हांगा जाल्या १८ व्या आंतरराष्ट्रीय पृथ्वी विज्ञान ऑलिंपियाडत भारतीय पंगडाचो आसपाव आशिल्लो. टीम इंडियान आंतरराष्ट्रीय भूविज्ञान युवा चळवळ रिपोर्टर श्रेणीत तिसरे बक्षिस मेळोवन एक भांगरा, ४ रुपया आणि २ कांस्यपदकां सयत एकूण सात पदका जिखुन उत्कृष्ट कामगिरी केली. हे वेळार उलयताना डॉ. जितेंद्र सिंह यांनी देशाक गौरव मेळोवन दिल्याबद्दल तरनाटे कामगिरी करणाऱ्यांचे कौतुक केले आणि फाटल्या दशकात भारताच्या स्टार्टअप क्रांती उपरांत हे निकाल तरुणांमदी, विशेषतः टियर-२ आणि टियर-३ शारातल्या नवीन आकांक्षावादी भावनेचे प्रतिबिंब करतात अशे सांगले. डॉ. जितेंद्र सिंह यांनी विद्यार्थ्यांक विज्ञान ज्योती, शिष्यवृत्ती, फेलोशिप आणि संशोधन अनुदान यासारख्या उपक्रमां वरवी सरकारकडच्यान उपलब्ध करून दिवपी संधींचो सक्रियपणान फायदो घेवपाचे आवाहन केले, जेणेकरून त्यांचे विचार समाजा खातीर फायदेशीर थारतले

मांडविया

युवा व्यवहार आणि खेळा मंत्री मनसुख मांडविया हांणी सांगले की, देशात 'संडेस ऑन सायकल' ही एक चळवळ जाल्या. घटमुट रावपाक आणि स्वदेशीक प्रोत्साहन दिवपाक, ५० परस अधिक खासदारांनी या कार्यक्रमात भाग घेतलो आणि स्वदेशीचो संदेश देशाक दिलो. नवी दिल्लीत भारतीय रेल्वेच्या सहकार्यान 'गर्व से स्वदेशी' या थीमसयत 'फिट इंडिया: संडेस ऑन सायकल' या कार्यक्रमात सहभागी जातना मंत्रयान म्हणले की, देशभरात आठ हजारां परस चड सुवातांनी हो कार्यक्रम आयोजित केल्लो. त्यांनी मुखार सांगले की, सायकलिंग हो फिट इंडियाचो संदेश आसा; हो सर्वोत्तम व्यायाम आसा आणि प्रदूषणाचेर उपाय आसा. जीएसटी सुधारणांबद्दल उलयताना, मंत्र्यांनी सायकलीवेली जीएसटी १८ टक्क्यां वेल्यान ५ टक्क्यांपर्यंत कमी करपाचेर उजवाड घालो

व्हेनिस

८२ व्या व्हेनिस चित्रपट महोत्सवात भारतीय चित्रपट निर्माती अनुपर्ण रॉय हांका ओरिझोन्टी विभागात सर्वोत्कृष्ट दिग्दर्शकाचो पुरस्कार मेळला . या विभागात नवीन आणि स्वतंत्र चित्रपटांचेर उजवाड घालो. ताचो चित्रपट, "सॉन्ग्स ऑफ फॉरगॉटन ट्रीज" हो या श्रेणीतलो एकमेव भारतीय चित्रपट आशिल्लो आणि तो मुंबईतल्या दोन स्थलांतरित बायलांची कथा सांगता. ओरिझोन्टी ज्युरीची अध्यक्ष ज्युलिया डुकॉर्नौ यांनी हो पुरस्कार जाहीर केलो. व्हेटर्नचे अमेरिकन दिग्दर्शक जिम जर्मुश यांनी त्यांच्या "फादर मदर सिस्टर ब्रदर" या चित्रपटाखातीर महोत्सवाचो सर्वोच्च सन्मान, सर्वोत्कृष्ट चित्रपटाचो गोल्डन लायन जिंकलो. न्यू जर्सी, डब्लिन आणि पॅरिसात सेट केल्या दृश्यांसयत हो चित्रपट कौटुंबिक गतिशीलता आणि पिळगेतल्या तणावाचो सोध घेता. सिल्व्हर लायन उपविजेता पुरस्कार ट्युनिशियाच्या कौथर बेन हानिया दिग्दर्शित "द

व्हॉइस ऑफ हिंद रजब" हाका मेळलो. गाझा झुजा वेळार मारील्या एका तरुण पॅलेस्टिनी चलयेच्या सत्य कथेर आधारित पाओलो सोरेंटिनो हांचो इटालियन चित्रपट ला ग्राझिया हातून थकलेल्या राष्ट्रपतीच्या भूमिके खातीर टोनी सर्विलो हांका सर्वोत्कृष्ट अभिनेत्याचा पुरस्कार फाव जालो तर 'द सन राइजेस ऑन अस ऑल' हातुंतल्या अभिनया खातीर चिनी स्टार झिन झिलेई यांना सर्वोत्कृष्ट अभिनेत्रीचो पुरस्कार फाव जालो. 'द स्मॅशिंग मशीन' खातीर मुख्य स्पर्धेत बेनी सॅफडी यांना सर्वोत्कृष्ट दिग्दर्शक म्हणून वेचले. इटालियन दिग्दर्शक जियानफ्रांको रोझी यांना त्यांच्या ब्लॅक-अँड-व्हाइट माहितीपट 'बिलो द क्लाउड्स' खातीर विशेष ज्युरी पुरस्कार दिलो

हॉकी

आशिया कप दादल्यांच्या हॉकी सर्तीत भारतान जैत मेळयलां. काल राजगीरांत जाल्ले सर्तीच्या फायनलींत आदलो वस्तद दक्षिण कोरियाक 4 आड 1 अशें हारोवन भारतान हे सर्तीचे वस्तादपण मेळयले.भारतान सुरुवेच्यानूच दक्षिण कोरियाचेर वर्चस्व दवरले. सुखजीत सिंगान खेळाच्या २९ व्या सेकंदात पयलो गोल केलो, त्याउपरांत दिलप्रीत सिंगान दोन गोल केले. अमित रोहिदास हांणे भारताखातीर चौथो गोल केलो. हॉकी पंगडाक मेळिल्ल्या प्रभावी जैताक लागून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परबीं दिल्यात.सोशल मिडियाचेर मोदी हांणी सांगलें की, डिफेंडिंग चॅम्पियन दक्षिण कोरियाक हारयल्ल्यान हो जैत आनीकय खास  आसा. देशांतले खेळगडे अनिकुय उंचायेचेर पावचे आनी देशाक चड गौरव हाडचो अशें तांणी मागणें केलें.

**हवामान 50**

**भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात आनी राजस्थानांतल्या काय  सुवातिनी पावस पडटलो असो अदमास उक्तायला. मध्य प्रदेश, ओडिशा, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी उत्तराखंड ह्या वाठारांनी आयज व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा. फुडल्या तीन दिसांत जम्मू, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, मध्य महाराष्ट्रांतय हळुवार ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.**